## मुख्यमंत्र्याकडल्यान लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं

ता. 14 ऑगस्ट 2018
23 श्रावण 1940

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी गोंयच्या लोकांक 72 व्या भारत स्वातंत्र्य दिसानिमतान हुनहुनीत परबीं दिल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, 15 ऑगस्ट हो राष्ट्रीय स्वातंत्र्य आनी तिरंग्याक अभिवादन करपाचो दीस. देशाच्या स्वातंत्र्याखातीर आमच्या म्हान राष्ट्रीय फुडा-यांनी परकीय राजवटीआड प्रखर लढो दिलो. आमच्या म्हान देशाची शांतीकाय आनी एकजूट राखून दवरून राष्ट्रीय सलोखो वाडोवप हे आयज आमचे कर्तव्य आसा.

स्वातंत्र्य दिसानिमतान प्रत्येक गोंयकाराक म्हजी परबीं, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात फुडे म्हणटा.